9 January 2024

सकाळी - 7.25

**PM Bhubneshwar -**

भुवनेश्वरांतल्या जनता मैदानांत आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी अठराव्या प्रवासी भारतीय दिवस अधिवेशनाचें औपचारीक उक्तावण करतले. भारत सरकारान ओडिशा सरकाराच्या सहकार्यान आयोजीत केल्लें 18वें प्रवासी भारतीय दिवस अधिवेशन 8 ते 10 जानेवारी मेरेन भुवनेश्वरांत जाता.ह्या कार्यावळींतल्यान भारतीय प्रवासी वांगड्यांक एकामेकां कडेन संपर्क सादपाक आनी संबंदीत जावपाक एक मंच मेळटा. "विकसित भारतांत डायस्पोराचें योगदान" ह्या विशयाचेर केंद्रीत आशिल्ल्या ह्या अधिवेशनाक हाजीर रावपा खातीर 50 वयर देशांतल्या प्रतिनिधींनी नोंदणी केल्या. फाल्यां अधिवेशनाच्या समारोप सुवाळ्याक वांटो घेवपा खातीर राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज सांजवेळा भुवनेश्वरांत पावतल्यो . आकाशवाणी दिल्ली आयज उक्तावण कार्यावळीची ऑफ ट्यूब कमेंट्री प्रसारीत करतली. 'इंद्रप्रस्थ', 'एफएम गोल्ड' आनी 'आकाशवाणी लायव्ह न्यूज 24x7' सकाळीं 9:55 वरांचेर आयकूंक मेळटा. आकाशवाणीच्या 'आकाशवाणी एअर' ह्या Youtube चॅनलाचेरूय हें प्रसारण लायव्ह प्रसारीत जातलें.

**Ganesh 100**

राज्यात तिसरो जिल्हो स्थापन करपाची प्रक्रीया सुरू आसा. तिसरो जिल्हो बेगीनूच स्थापन जातलो, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. पर्वरी मंत्रालयात मंत्रिमंडळ बसके उपरांत उलयताना तांणी ही म्हायती दिली. नोकरभरतीची प्रक्रीया सुरूच आसा. ह्या दोन म्हयन्यात नेमणुकेची पत्रां दिवचे

ना. एप्रिलसावन नोकरीची नेमणूक पत्रां दिवपाक सुरवात जातली. गोंय पुलिशीत वरिश्ट श्रेणी अधिकाऱ्यांची 6 पदां तयार करपाक मंत्रिमंडळान मान्यताय दिल्या. तशेच खण खात्यान कंत्राटी पद्दतीचेर 15 पदां भरपाकूय मान्यताय दिल्या. खण म्हालाच्या ई पावणेची प्रक्रीया सुटसुटीत करपा खातीर खण धोरणात दुरूस्ती जातली. गोरवा चिकित्सा म्हाविद्यालयाच्या प्राचार्य पदाचेर डी. आंतोनियो हांची कंत्राटी पद्दतीचेर नेमणूक केल्या, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मंत्रिमंडळ बसके उपरांत सांगलें.

**Desk 190**

येरादारी मंत्री मॉवीन गुदिन्हो हांची वाहन चालक परवान्याचो नूतनीकरण काळ वाडोवपाची मागणी केंद्रीय रस्तो  येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी मान्य केल्या. आतां हो काळ एक वर्सा बदला दोन वर्सा केला. केंद्रीय मंत्री नितीन गडकरी हांणी मंगळारा दिल्लीत सगल्या राज्यांच्या येरादारी मंत्र्यांची बसका घेतली. आनी गोया सयत सगळ्या राज्यांच्या येरादारी वेवस्थेचो नियाळ घेतलो. केंद्रीय मंत्री नितीन गडकरी 21 जानेवारीक गोंयांत येतले. मुरगांव बंदराक म्हामार्गाक जोडपी रस्तो आनी दाबोळी बोगमाळो जंक्शन ते केणी नगर मेरेन बांदिल्ल्या फ्लायओव्हराचे उक्तावण मंत्री गडकरी हांचे हस्तुर्की जातलें.  हे बसकेंत उलयतना मंत्री मॉंवीन गुदिन्हो हांणी गोंया खातीर म्हत्वाच्यो मागणी केल्यात.

**Santosh 130**

केंद्र सरकाराचे प्रकल्प हें जनतेच्या बऱ्याक आशिल्ल्यान ताका विरोध करप योग्य न्हय अशें मत पंचायत मंत्री माविन गुदिनो हाणी उक्तायला. शांतिनगर दाबोळे हांगा रेल्वे ओवर ब्रीज नव्या पुला खातीर पायपलायन घालपाच्या कामाची सुरवात केल्या उपरान्त उलयताना मंत्री गुदिनो हाणी म्हळा, की केंद्र सरकाराच्या चडशा प्रकल्पांक गोयांत सुरवेक विरोध जाला. पुण प्रकल्प पुराय

जातकच विरोध करपीच ताचो फायदो करून घेतात. कोंकण रेल्वेक सुद्धा सुरवेक असोच गोयांत विरोध जाल्ली म्हणपाची याद पंचायत मंत्री माविन गुदिनो हाणी ह्यावेळार करून दिली.

आमदार दाजी साळकार हाणी ह्यावेळार उलयताना वाडटी लोकसंख्या आनी येरादारीचो विचार करीत जाल्यार नव्या पुलाची खऱ्यानीच गरज आशिल्ली अशें सांगताना फुडल्या एक वर्सा भितर हो पूल बांदून तयार जातलो अशी म्हायती आमदार दाजी साळकार हाणी  दिली.

**Desk 100**

अर्थीक वर्साच्या निमाण्या तीन म्हयन्यांत अर्थसंकल्पीय तरतुदींतल्यान 20 टक्क्यां परस चड खर्च करपाक आनी तशेंच नवीं पदां तयार करपाक, फर्निचर, संगणक, झेरॉक्स मशीन, एसी, गाडयो विकत्यो घेवपाक सरकारी खात्यांक 31 मार्च मेरेन बंदी घाल्या. अर्थ खात्याचे अवर सचीव प्रणब भट हांणी हे विशींचें परिपत्रक जारी केला.

**Ganesh 200**

तियात्र ह्या कला प्रकाराक युनेस्कोची मान्यताय मेळोवपा खातीर राज्य सरकार खासा यत्न करतलें आनी हे संबंदी विधानसभेंत थाराव मांडटलें. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी तियात्र अकादमीच्या शिश्टमंडळाक हें आश्वासन दिलां. तशेंच तियात्र अकादेमी जाय मेरेन सांकवाळ कला भवनांत तियात्र अकादेमीक जागो दितले अशें आश्वासन मुखेलमंत्री डॉ. सावंत हांणी दिलें. तियात्र अकादेमीचे अध्यक्ष अँथनी बार्बोझा हांच्या अध्यक्षते खाला शिश्टनंडळान मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांची भेट घेवन वेगवेगळ्या मागण्यांचे निवेदन सादर केलें.

**DIP 85**

गोंय सरकाराच्या वस्तुसंग्रहालय संचालनालयान बिहार वस्तुसंग्रहालय, पाटणा हांच्या जोड पालवान 10 ते 31 जानेवारी 2025 मेरेन आर्ट गॅलरी, संस्कृती भवन, कला आनी संस्कृती संचालनालय, पाटो पणजी हांगा "सीता: बिहाराची कन्या" – "Sita: The Daughter of Bihar" ह्या विशयाचेर लोककला प्रदर्शनाचे आयोजन केला. लोक कला प्रदर्शनाचे उक्तावण 10 जानेवारीक सांजेच्या 4.30 वरांचेर पद्मश्री विनायक खेडेकर हांचे हस्तुकीं जातले. प्रदर्शन लोकांखातीर सकाळी 10.00 ते सांजेची 6.00 वरां मेरेन उकते आसतले.

**Sushant 130**

मडगावच्या गोमंत विद्या निकेतन या संस्थेन घडोवन हाडिल्ली विचारवेध ही व्याख्यानमाळ आयजसावन गोमंत विद्या निकेतन सभागृहात सुरु जाल्या. आयज ह्या व्याख्यानमाळेत सेव्ह लायफ फाऊंडेशनाचे संस्थापक पियुश तिवारी हांचे रस्त्यावयले अपघात आनी युवक ह्या विशयावयले व्याख्यान सध्या चालू आसा. अंदू वर्सा ह्या व्याख्यानमाळेचे हे २५ वे वर्स जावन आसा.

**Desk 65**

प्रसार भारती खबरा विभागा वतीन आकाशवाणी पणजी केंद्राचेर पूर्ण वेळ कंत्राटी पद्धतीचेर काम करपाक कार्यकारी संपादक म्हण एक तशेच अनुवादक-खबरावाचक म्हण एक अशा दोन सुवातींचेर दोन वर्सा खाती खातीर काम करपाक अर्ज मागयता. ही सेवा शुध्द कंत्राटी तत्वाचेर आसतली आणि म्हयन्याक विना अट ४० ते ५० हजार एकत्र पगार आसतलो हेर म्हाईती खातीर , अटी आनी तपशिलाखतीर प्रसारभारतीच्या संकेतथळावेल्या रिक्त पदांची घोशणा विभाग पळोवचो